Aakashvani Panaji

National news

6.30 pm 30th November 2025

Mann ki baat 134

हैदराबादात जगातलो सगळ्यात व्हड लीप इंजिन एमआरओ सुविधेचे उक्तावण, आयएनएस माहेचो भारतीय नौदलात समावेश, देशात स्कायरूटच्या इन्फिनिटी कॅम्पसचे अनावरण यासारख्या हालीच्यो घडामोडी भारताच्या नवीन विचारसरणी, नवोपक्रम आणि युवाशक्तीचे प्रतिबिंब आसात असे प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हानी म्हणला. आज आकाशवाणीच्या मन की बात कार्यक्रमात आपले विचार मांडताना मोदीनी म्हणले की, कृषी क्षेत्रात एक व्हड पांवडो गाठत भारतान ३५७ दशलक्ष टन अन्नधान्य उत्पादनाचो ईतिहासिक विक्रम प्रस्थापित केला. १० वर्षां आदीच्या तुलनेत भारताचे अन्नधान्य उत्पादन १०० दशलक्ष टनांनी वाडला अशे ताणी म्हणले

नोव्हेंबर महिन्यात संविधान दिसानिमित्त सेंट्रल हॉलात एक विशेष कार्यक्रम, वंदे मातरमचो १५० वो वर्धापन दिस, अयोध्येत राम मंदिरात धर्मध्वज फडकावप आणि कुरुक्षेत्रात ज्योतिसारात पंचजन्य स्मारकाचे उद्घाटन अशो खुप उर्बा मेळल्या अशे ताणी म्हळे. भारतात शियाळी पर्यटना खातीर सगळयो शक्यता आसात कारण हांगा पर्वत, संस्कृती आणि साहसा खातीर अनंत शक्यता आसात

Pbns 40

भारताची भौशीक सेवा प्रसारक, प्रसार भारतीन दूरदर्शन आनी आकाशवाणीच्या आरएनयू फाट्यात पूर्णवेळ कंत्राटी पद्दतीन कॉपी एडिटर पदाखातीर अर्ज मागयल्या. 2 दूरदर्शन आनी 1 आकाशवाणी खातीर ही पदां एक वर्सा खातीर आसतलीं, इत्सूक उमेदवारांनी प्रकाशनाच्या 3 डिसेंबर पयलीं avedan.prasarbharati.org वरवीं ऑनलायन अर्ज करचो.

रिजिजू 70

फाल्यां सावन सुरू जावपी संसदेच्या शिंयाळया अधिवेशनाच्या आदीं सरकारान आयज सर्वपक्षीय बसका घडोवन हाडली. केंद्रीय संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग अध्यक्षपदार आशील्ले. राज्यसभेंतले सभाघराचे फुडारी, कॉंग्रेस, तृणमूल कॉंग्रेस समाजवादी पक्ष राम JDU, टीडीपी आणि  शिवसेना फुडारी बसकेक हजीर आशिल्ले.

बसके उपरांत उलयतना संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी सांगलें, ही बसका सकारात्मक वातावरणांत जाली. दोनूय सभाघरांचें काम सुरळीत जावचें म्हूणून शिंयाळया अधिवेशनांत सगळया राजकी पक्षांच्या फुडाऱ्यांक सहकार दिवपाचें आवाहन सरकारान केलां अशें तांणी सांगलें.

Shivraj singh 126

केंद्रीय ग्रामीण उदरगत मंत्री शिवराज सिंग चौहान फाल्यां नवी दिल्लींत सरस आजीविका अन्न महोत्सव 2025 चें उक्तावण करतले. ह्या महोत्सवांत देशभरांतल्या 25 राज्यांतल्या सुमार 300 लाखपती दीदी आनी स्वताची मजत गटांतले बायलो वांटो घेतले अशी म्हायती ग्रामीण उदरगत मंत्रालयान दिल्या. वट्ट 62 स्टॉलांतले 50 स्टॉल जिवें जेवण दितले, जाल्यार 12 स्टॉलांनी ह्या महोत्सवांत सैमीक खाणां-जेवणाचीं उत्पादनां दितले अशें सांगलां. हरियाणा, अरुणाचल प्रदेश, महाराष्ट्र, केरळ, आसाम, उत्तर प्रदेश, उत्तराखंड, गोंय, गुजरात ह्या सारक्या राज्यां ह्या अन्न महोत्सवांत वांटो घेतात अशें मंत्रालयान सांगलां. दिल्लीभर आनी शेजारच्या शारांनी येवपी लोकांक 500 वयर उत्कृश्ट खाणां-जेवणांचो आस्वाद घेवंक मेळटलो, जातूंत देशाची विविधताय आशिल्ली खाणाची संस्कृताय आनी समाजीक कापड दाखोवंक मेळटलो. अन्न महोत्सव सकाळीं 11:30 ते सांजे 9:30 मेरेन भोंवडेकारांक उक्तो उरतलो. आनी फुडल्या म्हयन्याच्या 9 तारखे मेरेन चालू उरतले.